# पावसाळयात पसरपी दुयेंसाचेर बसकेत चर्चा

ता. 11 मे 2018
21 वैशाख 1940

आयज अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. विकास गावणेकर यांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्या उत्तर गोंय जिल्हो गट पावसाळी दुयेंसा समितीच्या बसकेत पावसाळयात पसरपी दुयेंसाचेर उपाय येवजण करपाच्या विषयाचेर चर्चा झाली.

बसकेत बांदकाम चालू आशिल्ल्या जाग्याचेर, बिच शॅक वाठार, घाणयारे उदक सोडपी वाठार, नुस्तेमारी जेटी तसेच उदकाची तळी, टायर्स्, प्लास्टीक बाटल्यो आनी हेर कोयराच्या जाग्यार पावसाळयात दुयेंसा पसरची न्हय म्हुण उपाय घेवपाचेर बसकेत चर्चा जाली.

पावसाळयात दुयेंसाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर कामगार खाते, भौशीक बांदकाम खाते, नगरपालिका, पंचायती, शिक्षण खाते, गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी हेर यंत्रणाचे सहकार्य घेवपाविशी बसकेत चर्चा जाली.

बसकेत गोवा कॅनचे समन्वयक श्री. रॉलांड मार्टिस, तिसवाडी तालुक्याचे उपजिल्होधिकारी मजुर आनी हेर संबंधित खात्याचे अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.